▶ विशेश लेख

# कोंकणीच्या माथ्यार कायलीच कायली!

## इंग्लिशीक चेपीं घालपाचो दिग्विजय केन्ना काय?

कवी मनोहरराय सरदेसाय हांचे 'इकरा जाण' हे कवितेंत दोन वळी अश्यो आसात:

***भायले शाणे, घरचे पिशे***
***लेखती आमकां नेण्टे कशे***

मनोहरराय फुडार-पारखी, 'इकरा जाण' ही कविता 1962-63 ह्या काळांत राचिल्ली ती तेन्ना खरी आशिल्ली तितलीच आयज लेगीत खरी आसा. बदल जाला तो इतलोच की 'भायले शाणे' हारून थंडावल्यात; पूण 'घरच्या पिश्यां' मदले थोडे जाण आजून तशेच उरल्यात आनी मर्दी-मर्दी तकल्यो वयर काडटात. हें घडये मनीसजातीचें एक खाशेलेपण! शिवाजी महाराजांचे फौजेंत लेगीत सुर्याजी पिसाळ आशिल्लोच न्हय?!

'साठ' हो श्री.संदेश प्रभुदेसाय हांचो कवितां झेलो हालींच उजवाडाक आयला. त्या झेल्यांत कविता, प्रस्तावना, एक इंग्लीश भाशेंतलो लेख आनी खासा प्रभुदेसाय हांचो 'मनांतुलँ' ह्या माथाळ्या खाला एक दीर्घ लेख आसा. त्या दीर्घ लेखांतल्या विचारांची आनी मतांची चिकित्सा करचे खातीर म्हजो हो लेख.

**'मनांतुलँ' ह्या लेखांतले मुखेल मुद्दे अशे :**

1. भास जशी उलयतात तश्शी बरोवंक जाय; सारको उच्चार दाखोवपाक कुरवो वापरूंक जाय.
2. डिजिटल तंत्रगिन्यानाच्या काळांत तर तशें करूंकच जाय.
3. प्रमाण भास सर्वसामान्य लोकांक आपली दिसूंक जाय; प्रमाण भाशेंत बदल जायत रावंक जाय.
4. बोलयांतलीं उतरां प्रमाण भाशेंत येवंक जाय.
5. अल्पसंख्य लोक प्रमाण भास भोवसंख्य लोकांच्या माथ्यार थापिनात मूं?
6. समाजांत उच्चभ्रू आनी सेकंड क्लास अशे घटक जावचे नात मूं?

ह्या मुखेल मुद्द्यां कडेन संबंद आशिल्ले आनिकूय कांय मुद्दे आसात. तांचेरूय ह्या लेखांत विचार जातलो.



**उदय भेंब्रे**
*साहित्य अकादेमी पुरस्कारान सम्मानीत ज्येश्ठ लेखक, गीतकार,पत्रकार आनी कोंकणी चळवळींतले ज्येश्ठ फुडारी*

**उच्चार**

उलयतात तश्शी बरयतात (कुरवो घालून वा घालिनासतना) अशी भास संवसारांत खंयूय आसा अशें हांवें अजून आयकूंक ना. हांव 4 देशी आनी 3 परदेशी भासो जाणां. ह्या भाशां मदली एकूय भास उलयतात तश्शी बरयनात. हेर कांय भाशां संबंदान आयकून जाणां. स्थिती आसा ती अशी:

कोंकणी उलयतात तश्शी बरयनात. एक कुरू वापरतात; पूण ती परदेशी उतरांचो उच्चार दाखोवपाक.

मराठी भासूय उलयतात तश्शी बरयनात. ते भाशेंत ऍकार, ऑकार नात, पूण दोन उच्चारांचीं व्यंजनां आसात. देखीक: **च** (चार, चोर); **ज** (जादू,जागा); **झ** (झाड, झेल).

हिंदी भाशेंत नुक्ता ही एकूच कुरु वापरतात. पूण कितलींशींच उतरां आसात. जीं बरयतात एके तरेन आनी उच्चारतात दुसरे तरेन: **मैं** (मँ), **है** (हॅ), **बैंक** (बँक).

बंगालींत बरयतात **व** आनी उच्चारतात **ब**; बरयतात **स** आनी उच्चारतात **श**. ह्या अक्षरां संबंदान कुरवो

वापरनात. गुजरातींत बरयतात **श** आनी उच्चारतात **स**; बरयतात 'भाई' पूण उच्चारतात 'भाय'. हे उच्चार दाखोवंक कुरवो नात.

आतां कांय परदेशी भाशां संबंदान कशी स्थिती आसा तें पळोवया:

इंग्लीश: ही भास उतरावळीन गिरेस्त तशीच साहित्यान गिरेस्त. ती संवसारीक भास म्हूण नामनेक पावल्या. हे भाशेंत एकूय कुरू वापरनात; पूण बरोवप एके तरेन आनी उच्चारप दुसरे तरेन अशीं रासभर उतरां. तीं चांटे-पावलाक मेळटात. बट आनी पूट ह्या उतरांनी **यू** हो स्वर आसा. पूण उच्चार वेगळे. पयल्या उतरांत **अ** जाता तर दुसऱ्या उतरांत **ऊ** जाता. पूण यू च्या माथ्यार तोपी ना आनी चेपेंय ना. **टी** आनी **एच** हीं व्यंजना बरोबर येतात तेन्ना एके कडेन **थ** जाता तर दुसरे कडेन **द** जाता. (थू-ऑलदो) डीओ **डू** जाता, तर टीओ **टू** जाता. असले फरक दाखोवपाक कुरु नात. **शू, ब्लू, क्रू,** हीं उतरां बरयतात एके तरेन तर उच्चारतात दुसरे तरेन.हे खातीर ते भाशेंत 'स्पॅलींग' ह्या विशयाक म्हत्व आयलां, तें सदांच उच्चारा वयल्यान कळटा अशें ना; स्पॅलींग शिकचें पडटा. इंग्लीश भास शिकपाच्या वावराचो तो एक म्हत्वाचो वांटो.

संदेश प्रभुदेसाय हांणी इंग्लीश भाशेंत दोन पुस्तकां बरयल्यांत. उच्चार दाखोवपाक तोपयो, चेपीं, फेटे बी निखालस वापरूंक नात. बरयलां एक आनी उच्चार जाता दुसरो हें जाणा जावनूय. उलयतात तशें बरोवंक जाय हो नेम तांणी थंय लागू करूंक ना. म्हण्टकूच (संजीव वेरेंकाराल्यो) कायली दवरपाच्यो त्यो फकत कोंकणी उतरांच्याच माथ्यार?

पुर्तुगेज भाशेंत 5 कुरवो वापरतात; तर फ्रेंच भाशेंत दोन वा तीन. पूण त्यो कुरवो सगल्या उतरांचे उच्चार दाखयनात. देखीक: बरयतात पारीस; पूण उच्चार पारी. कितल्याश्याच उतरांनी निमण्या अक्षराचो उच्चार जायना. पूण हें फ्रेंच भास शिकतना कळटा. कुरवांची खातड ना.

**अभ्यास ना**

ह्या विशया संबंदींच्या इतिहासाचो अभ्यास संदेश प्रभुदेसाय हांकां ना हें तांचो लेख वाचतकूच कळटा. ते शणै गोंयबाबान केल्ल्या प्रयोगाचो उल्लेख करतात आनी आपूण जशें मांडटां तशें शणै गोंयबाबाचेंय मत आशिल्लें अशें भासोवपाचो यत्न करतात. सत्य वेगळें आसा. शणै गोंयबाबान कांय प्रयोग केल्ले हें खरें; पूण तांणीच ते सोडून दिले हें सांगपाक प्रभुदेसाय विसरतात आनी कित्याक सोडून दिले हाचो सोद घेनात. शणै गोंयबाबालीं 23 पुस्तकां उजवाडाक आयिल्लीं आसात. तांचे मदल्या 'कोंकणी मुळावें पुस्तक' ह्या एकाच पुस्तकांत तो प्रयोग दिश्टी पडटा. थंय पसून शणै गोंयबाबान ऍकार आनी ऑकार दाखोवपाक अर्दचंद्र (वा कायली) वापरूंक नात. मात्रा उरफाटयो घाल्यात. पूण अदीक खोलायेन विचार-अभ्यास करतकूच तांकां पटलें की तशें करपाची गरजूच ना. देखून तांच्या हेर खंयच्याच पुस्तकांत तो प्रयोग ना. पूण तांणी आनीक एक प्रयोग केल्लो ताची खबर

## प्रमाणीकरण

प्रमाणीकरण वस्तूंचें आनी प्रमाणीकरण भाशेचें हांचे मदीं अंतर आसता. वस्तूंच्या प्रमाणीकरणांत uniformity आसता, जशे परी सी डी, विजेचो प्लग, पॅन-ड्राइव्ह. ती वस्त संबंदीत यंत्राक जुळची पडटा. भाशेच्या प्रमाणीकरणांत uniformity नासता. व्याकरणी नेम आनी प्रमाण रितीन बरोवपाचे नेम पाळून बरयल्ली भास प्रमाण जाता. एकाच अर्थाचीं पांच उतरां आसत जाल्यार चार भायर दवरून एक मानून घेवप हें प्रमाणीकरण न्हय. सगलीं उतरां प्रमाण. एका अर्थाचीं जितलीं चड उतरां तितली भास गिरेस्त.

## बॉमाडॉ

फुगलॅलॉ बॉमाडॉ
दाम दाम दामलॉ
ढुम्म करॉन फुटलॉ
फुटलॉ तॅचॉच बॉवाळ
कॉर्ण फॉडलॉ तॉ मात खुशाल
चामडी लोळयली बॉमाड्याची
धारावन तॅका आकांतवादी
पिसडॉन खायलॉ बॉमाड्याक
बॉमाड्याच्या आवयभयणांक
भूंयभरवण नपयत केलीं
बॉमाड्यांच्या समॅस्त पिळग्यांक

प्रभुदेसाय हांकां नासुंये. **अ** ह्या स्वराचे आनीक दोन उच्चार मेळटात. अक्षराचेर उबी वा आडवी आडी घालून ते उच्चार ते दाखयताले. ही तरा तांच्या चडश्या पुस्तकांनी पळोवंक मेळटा. पूण उपरांत खोलायेन अभ्यास करतकूच ती तरा बंद जाली. प्रभुदेसाय अर्दचंद्र (वा कायल) घालून ऍकार आनी ऑकार दाखयतात आनी उच्चाराचो विशय थांबयतात. **अ** स्वराच्या त्या दोन उच्चारांचें कितें? कांय व्यंजनांच्या दोन उच्चारांचें कितें? तांचो पुनर्प्रयोग अर्दकुटोच उरता!

**आदले प्रयोग**

मुंबय कोंकणी भाशा मंडळ 1942 च्या सुमाराक स्थापन जालें. मंडळान 'साद' नांवाचें नेमाळें काडलें. तातूंत कांय उच्चार दाखोवपाक अर्दचंद्र (वा कायल) घालपाचो प्रयोग कांय लेखकांनी केल्लो; पूण तो गरजेचो न्हय हें कळटकूच बंद जालो.

गोंयचे मुक्ती उपरांत 1970 च्या दसकांत गोंयच्या कोंकणी भाशा मंडळान एक समिती नेमून मुळाव्या शिक्षणा खातीर पुस्तकां तयार केलीं. तीं तयार करतना उच्चाराच्या विशयाचोय अभ्यास जालो आनी कुरवांची गरज ना अशें थारलें.

1980 च्या दसकांत गोवा कोंकणी अकादेमी स्थापन जाली. अकादेमीन जाणकारांची समिती नेमून प्रमाण रितीन बरोवपाचे नेम तयार केले. ते समितीनूय उच्चार, कुरवो नाकात अशें थारायलें.

जांणी हे निर्णय घेतले ते म्हजे सारके वा संदेश प्रभुदेसाय हांचे सारके नाशिल्ले. ते भाशांचे, भासशास्त्राचे, नादशास्त्राचे बी जाणकार आशिल्ले, अणभवी आशिल्ले. कांय जाण तज्ञ आशिल्ले. तांचे परस प्रभुदेसाय चड गिन्यानी आसात अशें कोण मानतलो?!

अकादेमीच्या निर्णया उपरांत 30-35 वर्सां उलगल्यांत. कोंकणी भाशेन उदगतीचे दिशेन पावलां घाल्यांत. शिक्षणांत कोंकणी मुळाव्या पावंड्या वयल्यान पदव्युत्तर पावंड्या मेरेन पावल्या. डॉक्टरेटीचे प्रबंध कोंकणींतल्यान बरयतात. साहित्याच्या मळार उपाट पीक येता. अश्या वेळार संदेश प्रभुदेसाय परत फाटीं वचपाचो आनी गरज नाशिल्लो कुरवांचो उद्देग कित्याक करतात तें समजना. कोंकणी भाशेचे उदरगतीक पालव दिवपाचो नासत जाल्यार दिवचो न्हय; पूण खूब पिडापीड भोगिल्ले हे आमचे भाशेच्या मार्गांत आडमेळीं कित्याक? तीं उबीं करपाचो हेतू नासतलो अशें हांव धरतां.

**डिजिटल क्षेत्र**

संदेश प्रभुदेसाय हांचो दुसरो एक मुद्दो आसा की डिजिटल क्षेत्रा खातीर कोंकणी उलयतात तश्शी बरोवपाची गरज आसा आनी ते खातीर कुरवो वापरपाची गरज आसा.

डिजिटल क्षेत्रांत कोंकणी आनीक फुडें वचूंक जाय आनी त्या तंत्रगिन्यानाचो लाब कोंकणीक मेळूंक जाय हे विशीं दोन मतां आसचीं नात. पूण तें साध्य करपाक अर्दचंद्र, तोपी, पगडी, चेपें ( वा कायल ) हांची गरज आसा हें बुद्दीक पटना. ह्या विशयांत कोंकणीचो एक पूत जागृत आसा आनी हेर सगल्यो देशी भासो न्हिदल्यात अशें समजुपाचें? प्रभुदेसाय सांगतात तें मराठीन करूंक ना, हिंदीन करूंक ना. त्या भाशांनीय उलोवप एके तरेन आनी बरोवप दुसरे तरेन अशीं जायतीं उतरां आसात. भारतांतले हेर खंयचेय भाशेन असली सर्कस केल्या अशेंय आयकूंक ना. तामीळ भाशेंत **क, ख, ग, घ** ह्या व्यंजनां खातीर एकूच अक्षर आसा. पूण तामीळ लोकांनी कायलींची ऑर्डर दिल्या अशें आयकूंक ना. परदेशी भाशां संबंदानूय असली सर्कस सुरू जावंक ना. इंग्लीश भाशेचीच देख घेवया. ती भास उलयतात तश्शी बरयनात. बरोवप एके तरेन आनी उच्चारप दुसरे तरेन असलीं उतरां चांटे-पावलाक मेळटात. पूण ही भास उतरांच्या माथ्यार एकूय कुरू घालिना. इंग्लीश उलोवपी लोक पिशे काय? इंग्लीश भास संवसाराच्या मोठ्या वाठारांत पातळ्ळ्या. तिका आंतरराष्ट्रीय भास मानतात. ती डिजिटल क्षेत्रांत आसा. इंटरनॅट तर फकत इंग्लिशींतल्यान चलता. तिका कुरवो

## युनिव्हर्सल नॅटवर्किंग लँग्वेज

इंग्लीश भाशेचो प्रभाव डिजिटल तंत्रज्ञाना वरवीं वाडून हेर भासो फाटीं पडटीत असो हुस्को बिगर इंग्लीश भाशांक आसा देखून हेर भाशांच्या राष्ट्रांनी इंटरनॅशनल लँग्वेज फंड नांवाची संस्था स्थापन केल्या. ह्या राष्ट्रांमदीं स्पेन, फ्रान्स, जर्मनी, भारत, चीन, जपान आनी हेर राष्ट्रां आसात. तांणी इंटरनॅशनल नॅटवर्किंग लँग्वेज तयार करपाचो प्रकल्प चालीक लायला. भारत सरकारान आपणालो ऑटोमॅटिक अणकाराचो प्रकल्प ताका जोडला. कोंकणी विशींचो वावर गोंय विद्यापीठ करता. हो प्रकल्प चलयतल्यांक उच्चाराची अडचण येवंक ना आनी कुरवांची गरज पडूंक ना.

## अर्दकुटो उध्दार

संदेश प्रभुदेसाय कोंकणी भाशे संबंदान कुरवांचो आदार घेतलेच जाल्यार फक्त अर्दचंद्र वा कायली पावच्यो नात. त्यो ऍकाराक आनी ऑकाराक पावतल्यो. 'अ' स्वराचे तीन उच्चार आसात. मागीर 'च', 'ज', 'झ' हीं व्यंजनां आसात. जांचे दोन–दोन उच्चार जातात. तांचे खातीर तांकां गिरे, नक्षत्रां बी हाडचीं पडटलीं–कुरवो म्हूण वापरपाक. सध्या तांची 'प्रमाण' कोंकणी अर्दकुटी आसा.

कश्यो लागनात? तांचे मदीं एकूय संदेश प्रभुदेसाय ना काय? ते इतले घाळ कशे? काय सगलो संवसार कायली कोंकणीच्याच माथ्यार आसपाच्यो अशें धरून चलता? म्हाका हें कुवाडें. प्रभुदेसाय हांचे कडेन घडये ताची जाप आसत!

### भाशा – बोली गोंदळ

भाशा आनी बोली हांच्या नात्या संबंदानूय तांच्या विचारांत गोंदळ आसा. दर एके भाशेक बोलयो आसतात; पूण तेच बराबर एक प्रमाण भास आसता. आमी जेन्ना मराठी, हिंदी, इंग्लीश, पुर्तुगेज शिकतात तेन्ना प्रमाण भासो शिकतात. बोलयो उलोवपाक वापरतात. बोलयांतली उतरावळ प्रमाण भाशेंत येवपाची प्रक्रिया चालूच आसता. ते वरवीं प्रमाण भास गिरेस्त जाता. मराठी, गुजराती ह्या भाशां संबंदान बोलयांतलीं उतरां प्रमाण भाशेंत येतात अशें प्रभुदेसाय म्हणटात. खरें तें; पूण तीच प्रक्रिया प्रमाण कोंकणी संबंदानूय घडटा हें ते विसरतात. गोंय राज्याचोच विचार केल्यार भासशास्त्राचे नदरेन बोलयो आसातूच; पूण तांचे भायर कितल्योश्योच शैली आसात आनी त्या शैलींनीय खेरीत अशी उतरावळ आसा. त्या



शैलींनी उलोवपी लेखक बरयतात तेन्ना सबावीक रितीन कांय नवीं उतरां प्रमाण भाशेंत येतात. हें चालूच आसता. शशिकांत पुनाजी, अद्वैत साळगांवकार हांच्या पुस्तकांनी पेडणेंचे शैलींतलीं उतरां आयल्यांत, तर डॉ. प्रकाश पर्येकार, डॉ. प्रकाश वजरीकार हांचे बरपावळींत सत्तरीचे शैलींतलीं उतरां आयल्यांत. फाल्यां हीं उतरां शब्दकोशांनी पावतलीं. हे प्रक्रियेक कोणेंच आडखळ करूंक ना; वयल्यान येवकार दिला. महाबळेश्वर सैल, देविदास कदम हे गोंयचे शिमेक लागून आशिल्ल्या कर्नाटकी वाठारांत जल्मल्ले आनी वाढिल्ले लेखक. तांणी थंयचे शैलींतली कितलीशीच उतरावळ प्रमाण कोंकणींत हाडल्या.

**प्रमाण भास**

प्रमाण भाशे संबंदानूय प्रभुदेसाय हांच्या विचारांनी गोंदळ दिसता. प्रमाण भास ही कोणूच कृत्रीम रितीन घडयना. ती सबावीक रितीन जाता. चार पंडीत बसले, हे बोलींतलें थोडें ते बोलींतलें थोडें घेतलें आनी ती प्रमाण भास म्हूण जाहीर केली अशें घडना. इंग्लीश उतर वापरून सांगचें जाल्यार प्रमाण भास evolve जाता. वेगवेगळ्या भाशांचो इतिहास वाचलो जाल्यार प्रक्रिया दिसून येता ती अशी :

दर एक भास आदीं बोलीच आसता. आरंभाक कोणूय एक व्यक्ती तिका लिखीत रूप दिता. दुसरी एक व्यक्ती पयलेचें अनुकरण करता, पूण आपलेंय खाशेलेपण भाशेंत हाडटा. ल्हवुल्हवू समाजांतल्या वेगवेगळ्या घटकांतले बरोवपी नवी उतरावळ हाडटात आनी अशे तरेन मुळांत बोली आशिल्ली भास प्रमाण रूप घेता. तें रूप सदांकाळ तशेंच उरता अशेंय ना. गरजे प्रमाण आनी भाशीक, समाजीक, शिक्षणीक वा सांस्कृतीक कारणांक लागून बदल जायत वतात. पूण ते मुळावी बांदावळ बदलनात. इंग्लीश भास दर वर्सा सुमार 150 उतरां दुसऱ्या भाशांतल्यान घेता; पूण ताका लागून मुळावी बांदावळ बदलना.

प्रमाण भाशेचो आनीक एक लाब आसा. कांय शैली धर्मा प्रमाण आसात तर कांय शैली जाती प्रमाण आसात. शैली वयल्यान धर्म वा जात कळटा. भेद उक्ते जातात. प्रमाण भाशेंत त्या भेदांचें पडबींब नासता. उण्यांत उणें, भाशेच्या मळार तरी ते भेद ना जातात. समाजीक एकवटाचे नदरेन हे गजालीक खूब म्हत्व आसा. हाचो अर्थ बोलयो वा शैली ना–नपश्चात करच्यो असो न्हय. दामोदर मावजो, महाबळेश्वर सैल, पुंडलीक नायक, देविदास कदम, गोकुळदास प्रभू आनी हेर कांय लेखक– लेखिका एक रीत

## कुरवांचे दुवाळे

जर कुरवांमोगी संदेश प्रभुदेसाय हांकां टू, डू, डॉन, क्लोन, मॅट, कॅट, बॅट, रॅट, हीं इंग्लीश भाशेंतलीं उतरां कुरवां बगर सारकीं उच्चारूंक येतात तर पेर (झाड), पेर (फळ), येंडो, बोंडो हीं कोंकणींतलीं उतरां सारकी उच्चारपाक कुरवांचे दुवाळे कित्याक जावचे? इंग्लीश घरची आनी कोंकणी परकी असो भेद ते करतात काय?

आपणायतात. निवेदन प्रमाण भाशेंत करतात आनी संवाद त्या त्या पात्रांचे शैलींत दवरतात. प्रमाण भास आनी बोली वा शैली हांचें नातें सांबाळून दवरपाचो हो एक बरो मार्ग. हेर कांय लेखकांच्या साहित्यांतूय नवीं उतरां येतात, तांचें प्रमाण उणें आसूं. प्रमाण भाशेक लागून बोलयो वा शैली ना जायनात. त्यो उलोवपांत उरतात. मात काळा प्रमाण तातूंतय बदल जातात.

**वांटे आनी भेद**

प्रमाण भाशेक लागून समाजांत भेद जावचे नात मूं हो आनीक एक मुद्दो. तशें खंयचेच भाशेच्या संबंदान घडूंक ना. कोंकणी भाशेच्या संबंदानूय अजून मेरेन घडूंक ना. हाचे फुडें तशें घडत ही भिरांत भाशां विशींच्या अज्ञानांतल्यान येता.

ह्या मुद्द्या वांगडाच संदेश प्रभुदेसाय हांका आनीक कांय प्रस्न पडटात :

– दोन भाशीक समाज घडचे नात मूं ?

– प्रमाण भास समाजाक विभागून वडोवची ना मूं?

– उच्चभ्रू आनी 'सेकंड क्लास' अशे समाज घटक जावचे नात मूं?

हे प्रस्न संवसारांतल्या भाशां विशीं अभ्यास नाशिल्ल्यान उपरासतात. हेर संवसार कडेक दवरूंया आनी आमच्या देशांतल्या भाशां संबंदान कितें घडलां तें पळोवया. संविधानाचे आठवे अनुसुचींत 22 भाशा आसात. साहित्य अकादेमीन 24 भाशा मानून घेतल्यात. दर एके भाशेंत प्रमाण रूप आसा आनी उपभाशा वा बोलयो आसात. खंयच संघर्श ना. समाजाचे वांटे जाल्ले नात. उच्चभ्रू आनी 'सेकंड क्लास' अशे वर्ग जाल्ले नात. आमकां लागींची भास मराठी. प्रमाण मराठी आसा आनी बोलयोय आसात. पुणेरी शैली प्रमाण जाल्ली आसा; पूण तातूंत बदल जाल्यात आनी नवे उतरावळीची जायती भर

पडिल्ली आसा. म्हत्वाचें म्हळ्यार, दोन भाशीक समाज जावंक नात. मराठीभाशी समाजाचे वांटे जावंक नात; आनी उच्चभ्रू आनी 'सेकंड क्लास' अशे वर्ग जावंक नात. साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार सुधीर रसाळ हांकां मेळ्ळा तसोच तो लक्ष्मण माने हांकांय मेळ्ळा. अशेंच कोंकणी आनी हेर भाशां संबंदानूय घडलां.

### मार्क्सवादाचें वक्ल

आपूण 'मार्क्सवादी' अशें संदेश प्रभुदेसाय म्हणटात. ताका लागून घडये मार्क्सवादाचें वक्ल लावन ते भाशां कडेन पळयतात आनी दर एके भाशेंतूय वर्ग- संघर्श आसा अशें समजतात. वास्तव वेगळें आसा. गोंयांत तथाकथीत उच्च वर्गाची एकच भाशा-शैली ना. तेच भाशेन सर्वसामान्य लोकांचीय एकूच भाशा-शैली ना. सगल्यांची भास एक; पूण शैली वेगवेगळ्यो आसात आनी त्यो खूब आसात. हें फकत कोंकणीचेंच खाशेलेपण न्हय; हेर देशी भाशां संबंदानूय तशीच परिस्थिती आसा. खंयचोच प्रदेश बोली वा शैली हांकां लागून फुटूंक ना. भाशा-बोली वा भाशा-शैली हांचे वयल्यान खंयच्याच समाजाचे वांटे जावंक नात आनी वर्ग-संघर्शय जावंक ना. प्रभुदेसाय हांचे 'मार्क्सवादी' भिरांतीक कसलोच आदार ना. ते भाशेच्या मळार वर्ग-संघर्श सुरु करूंक सोदतात जाल्यार गजाल वेगळी!

### 'क्रांतिकारी' विचार

हो लेख बरयतां- बरयतां एक विचार मनांत आयलो. तो हांगाच उक्तावप योग्य जातलें. विचार असो :

भास उलयतात तश्शी बरोवपाचो खेळ संदेश प्रभुदेसाय करतात आनी तो हेरांनीय करचो अशें सुचयतात. फाटल्या इतिहासाचेर निखालस नदर मारनात. हो खेळ ते कोंकणी भाशे संबंदान करतात. म्हाका दिसता, असलो खेळ करपांत तांकां खोस वा समाधान मेळटा जाल्यार तो तांणी अवश्य करचो. पूण तो कोंकणी भाशे संबंदान करचे सुवातेर इंग्लीश भाशे संबंदान करचो. हाचीं कारणां अशीं-

कोंकणी ही इंग्लिशीच्या मानान ल्हान भास.कोंकणीभाशी लोक आसून आसून 30-40 लाख आसत. वाठारूय ल्हान. गोंय राज्य, कर्नाटकांतले कांय वाठार, केरळांतले कांय वाठार आनी महाराष्ट्रांतलें मुंबय शार. कोंकणी संबंदान केदोय दिग्विजय केलो तरी तो कोंकणीभाशी समाजांत गाजतलो वा चार राज्यांनी ताची तोखणाय जातली. दुसऱ्या उतरांनी सांगचें जाल्यार, तो दिग्विजय एके शिमे भितर उरतलो! येदी मोटी क्रांती अशी मर्यादीत उरप बरें न्हय. तो प्रभुदेसाय हांच्या कांतिकारी खेळाचेर अन्याय जातलो!

हाचे उरफाटें, इंग्लीश भाशेचें साम्राज्य कितल्याशाच पटींनी मोटें. ती भास संवसारभर पातळ्ळ्या अशें इल्ली अतिताय करून म्हणुंयेता. ती वापरपी लोकांचो आंकडो मोटो. ती भास उदरगतीक पावल्या. उतरावळीचें प्रमाण मोटें आनी ती व्हड गतीन वाडटा. साहित्य गिरेस्त. भास आंतरराष्ट्रीय भास म्हूण नामनेक पावल्या. इंटरनॅट फकत इंग्लिशींत चलता. संदेश प्रभुदेसाय हांच्या विचारांचो आनी अभ्यासाचो लाब तिका मेळत जाल्यार संवसारीक क्रांती जावन इंग्लीश आनिकूय तरतरतली! उलयतात तश्शी ती बरोवपा खातीर कुरवो वापरतकूच ते भाशेचें जें सुदारप जातलें तें जगांत घणघणटलें!

दुसरें, कोंकणी भाशेंत उच्चार दाखोवचे पासत कुरवो वापरपाक वाव आसा तो साप्प थोडो. अ, ऍकार, ऑकार आनी कांय व्यंजनां इतले पुरतोच. पूण इंग्लीश भाशेंत तो खेळ करपाक खूब वाव आसा. बरयतात एके तरेन आनी उच्चारतात दुसरे तरेन असल्या उतरांची दोंगरा येदी रास आसा. **इ, टू, बट, पूट, थ्रू, दो, शूड, वूड** हीं आनीक हेर शेकड्यांनी उतरां! एका **ए** स्वराचे तीन उच्चार, **यू** स्वराचे तीन उच्चार, **इ** स्वराचे तीन उच्चार, **ओ** स्वराचे तीन उच्चार! तोपयो, चेपीं, हॅलमॅटां, कायली, चंद्र, नक्षत्रां हें सगलें खोंटल्यांनी लागतलें! सगल्यो कुरवो सोंपतकूच मुकूट पसून जाय पडत! ना, मुकूट नाका; 'मार्क्सवादी' संदेश प्रभुदेसाय हांकां ताची ऍलर्जी आसतलीच. एक मात खरें, कुरवांचे पांटले आनी खोंटले न्हय; वर्जी लागतली ! पूण हें काम करपा सारकें आसा. इंग्लीश भाशेच्या खंयच्याच तज्ञाक हें आज मेरेन जमूंक ना. हें क्रांतिकारी सुदारप एका भारतीय मनशान केलें जाल्यार भारताक केदो अभिमान! ब्रिटिशांनी भारताचेर देडशें वर्सां राज्य केलें. तेन्ना आमकां नमचें पडलें; पूण एका भारतीय नागरिकान इंग्लीश भाशेचो असो उद्धार करतकूच संवसारांतलो सगलो इंग्लीशभाशी लोक भारता मुखार साश्टांग नमस्कार घालतलो! आनी एका गोंयकारान हो विक्रम केलो म्हणून आमकां संदेश प्रभुदेसाय हांचो केदो अभिमान दिसतलो! आमी सगलीं धोल-ताशे वाजयत नाचतलीं!

तो दीस बेगीन उदेवं!

---

*मडगांव, मो. 9822163223*